**regional news 23.07.2025 @ 7.25 am**

**रश्मी 100**

म्हादयचे उदक कर्नाटक वळोवपाक लागला, मात गोंय सरकार हे विंशी कांयच करीना असो आरोप आयज विरोधकांनी केलो. म्हादयच्या ह्या प्रस्नाचे गांर्भीय लक्षात घेवन सभाघर समिती स्थापन केल्या खरी, मात कर्नाटक ज्या प्रमाण म्हादयचे उदक वळोंवक लागला त्या विशयाकडे गांर्भीयान पळयना असो आरोप करीत सभाघरात शुन्य वराच्या लक्षवेध सुचनेवेळार विरोधकांनी बोवाळ घालो. ह्या समितीची निमणी बसका जानेवारी म्हन्यात जाल्ली, सरकार आजुन मेरेन कशे गंभीर ना, ही समितीच बरखास्त करात , हाव ह्या समितीचो राजिनामो दिता अशे ह्यावेळार आमदार विजय सरदेसाय हांणी म्हणला. ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी कर्नाटकाक म्हादयचे उदक कशेचं वळोंवक दिवचे ना हे बाबतीन गोंय सराकर गंभीर आसा अशे मुखेलमंत्र्यान सांगले

**रश्मी २००**

गोंयच्या सुटके झुजाऱ्यांच्या पैकी फकत २५ जणांकुच सरकारी सिर्वीस दिवपाची उरला. ह्या १९ डिसेंबर म्हणल्यारुच गोंय मुक्ती दिसापयली ह्या २५ जणांक शिरवीस दितले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आमदार जीत आरोलकार हाणी विचारील्लया प्रस्नाक जाप दितना सांगले. सेप्टीक टॅन्कांचो वेवसाय करपी वेवसायिकांनी सिवेजीचो रितसर प्रक्रिये प्रमाण विलो लावप गरजेचे आसा, जर कोणी शेतानी वा दोगोंर वा हेर सुवातीनी घाण्यारे उदक व्हरुन सोडटा जाल्यार ताचेंर सराकर खर कारवाय

करतले अशी शिटकावणी मुखेलमंत्र्यान दिला. गोंयात गोंयां भायले पोस्टमेन तांचे काम सारखे करीनात, तांका पत्तो कळ ना. ह्या पोस्टमॅनांक कोंकणी भाशा कळना ताका लागुन ते गोंयात काम करतना घुसपतात, कितलेशेच पावट महत्वाची पत्रा ते संबंधित मनशांकडे पावयनात अशे सरदेसाय हाणी सांगले आणि सरकारान हो प्रस्न जाता तितल्या बेगीन सुटावो करचो अशी मागणी तांणी ह्यावेळार केली byteविजय

ह्यावेळार जाप दितना मुखेलमंत्र्यान म्हणले byte CM

जाल्यार नवेलीची सरकारी प्राथमिक शाळा सद्या सामकी बाबात स्थितीन आसा अशे विरोध पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी म्हणले शाळेचे पाखे मोडकळीक आयला, तशेचं टॉयलेट सुविदा नाशिल्यान विद्यार्त्यांचे हाल जातात, हो प्रस्न शिक्षण खात्यान जाता तितल्या बेगीन सुटावो करचो अशी मागणी ह्यावेळार युरी आलेमाव हांणी केली byte युरी

स्पोर्ट्स 40

भारतीय क्रिकेट नियामक मंडळाचे आदले उपाध्यक्ष आनी गोंवा क्रिकेट असोसियेनाचे आडले अध्यक्ष प्रशांत जोशी हांका GCA न जीवन गौरव पुरस्कारान भौमानीत केले.

गोयात 3 ते ९ सप्टेम्बर मजगती जावपी ३८ व्या राष्ट्रीय बुद्धिबळ सरतीत १३ वर्सा सकयल्या उक्ती आणि चल्यांच्या गटातली सरत जातली

IMD 40

पणजी वेधशाळेन राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता अशी शित्कावणी दिल्या